**आकाशवाणी पणजीच्या**

**25.02.2025 @ 7.25 am**

Ganesh 160

वीज खांब्यांक बांदिल्ले ब्रॉडबॅण्ड केबल तोडपाचे कारवायेक अंतरीम स्थगिती दिवपाक उच्च न्यायालयान न्हयकार दिल्ल्यान केबल ऑपरेटर्सां मुखार संकश्ट आनीक खर जालां. ब्रॉडबॅण्ड केबल ऑपरेटर्सांनी दाखल केल्ले याचिकेचेर सुनावणी आतां १८ मार्चाक सुनावणी जातली. शुल्काची थकबाकी भरूंक नाशिल्ल्यान केबल तोडपाची कारवाय सुरू करतले, अशें कार्यकारी अभियंते काशिनाथ शेट्ये हांणी स्पश्ट केलें.

टेलिवीजन तशेंच इंटरनेट सेवा दिवपा खातीर वीजेच्या खांब्यांचो वापर करतात. विजेच्या खांब्यांक केबल बांदून सेवा दिता. हाका लागून वीज खातें शुल्क घेतात. फाटलीं पांच वर्सां शुल्क भरूंक नाशिल्ल्यान वीज खात्यान केबल तोडपाची कारवाय सुरू केल्ली. हाचे आड फाटल्या म्हयन्यांत वीज खात्यान कारवाय सुरू केली तेन्ना केबल ऑपरेटर्स सं ंघटणेन उच्च न्यायालयांत याचिका दाखल केली. केबल ऑपरेटर्सांनी उच्च न्यायालयांत केबल तोडपाची कारवाय फुडें धुकलपाची मागणी केली. ही मागणी उच्च न्यायालयान मान्य करपाक न्हयकार दिला. याचिकेचेर फुडली सुनावणी १८ मार्चाक जातली.

मध्यंतरीच्या काळांत वीज खात्यान केबल ऑपरेटर्सांक शुल्का सयत दंड भरपाच्यो नोटिसो धाडिल्ल्यो. ह्या नोटिसांक केबल ऑपरेटर्सनी कसलोच प्रतिसाद दिवंक ना. हाका लागून वीज खातें खांब्यावेले केबल तोडपाची कारवाय सुरू करतले, अशें वीज खात्याचे कार्यकारी अभियंते काशिनाथ शेट्ये हांणी सांगलें.

Ganesh 140

कॅन्सराची (कांक्र) स्टेज तशेंच एकं ंदर दुर्येसाची खरसाण कळपा खातीरची फावंडेशन 1 चांचणी आतां गोंयां ंत लेगीत सुरू जातली. ही चांचणी करपी गोंय हे देशांतलें पयलें राज्य थारतलें. भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी ही म्हायती दिली.भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी पणजेत पत्रकार परिशद घेतली. कॅन्सर हॉस्पिटलाचो वावर नेटान सुरू आसा. दोतोरांनी कॅत्सरा खातीर तपासणी केले उपरां ंत दोतोर शिफारस करतलें. दुर्येतीच्या कुडीचो कुडको काडून तो (बायोप्सी) हॉस्पिटलातल्या प्रयोगशाळेंत धाडटले. हाचे खातीर मुंबयच्या कंपनी कडेन कबलात जातली. एके चांचणेक 2 ते 3 लाख रुपया खर्च येता. सीएसआर खाला ही चां ंचणी सुरू जातली, अशें राणे हांणी सांगलें. कॅत्सराच्या हॉस्पिटला खातीर प्रोटोन थेरपी मशिनां सयत 1,200 कोटींची मशिनां हाडपाचो प्रस्ताव आसा. सामान्य मनशाक कॅन्सराच्यो चां ंचण्यो तशेंच उपचार परवडपा सारके आसनात. हाका लागून सरकार सवलतीच्या दरात उपचार तशेंच हेर सेवा उपलब्ध करतलें, अशें तांणी सांगलें.तशेंच दरेकी मतदारसं ंघांत घोळटे भलायकी सुविधा कें ंद्र (मोबायल हेल्थ कॅर युनीट) सुरू करपाचो प्रस्ताव आसा.

NSD 140

रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियान आर्थिक साक्षरता सप्ताह 2025 सुरू केला . लोकांमधदी आर्थिक जागरूकता वाढोवपाच्या उद्देशान हो वार्षिक उपक्रम आसा. या वर्सा, “आर्थिक साक्षरता – बायलांची समृद्धी” या मथाळ्याखाला ही मोहीम 24 ते 28 फेब्रुवारी मजगती चलता. अरुणाचल प्रदेशात आरबीआय प्रादेशिक कार्यालय इटानगराचे महाव्यवस्थापक अभिषेक मुझुमदार हांणी आज इटानगरात डीके कन्व्हेन्शन सेंटरात आयोजित कार्यक्रमात या मोहिमेचो शुभारंभ केलो. यावेळार उलयताना मुझुमदार हांणी

म्हणले की, या वर्साचे थीमीत बायलांक आर्थिक आणि सामाजिकदृष्ट्या सक्षम करपाचेर भर दिला. त्यांनी बँकर्सांक गिरायकां मेरेन पावपाकआणि त्यांका सरकार आणि बँकांनी प्रदान केल्ले सगळे डिजिटल वितीय आणि बँकिंग ॲप्स वापरपाक प्रोत्साहित करपाक सांगले. तशेच या प्लॅटफॉर्मचो वापर करताना धोके आणि खबरदारी याबाबत जागरूकता निर्माण करपाकय सांगले. मोहिमेचो एक भाग म्हणून, बँकांक त्यांच्या वेबसाइट्स, एटीएम, मोबाइल ॲप्लिकेशन्स आणि त्यांच्या फाट्यांनी डिस्प्ले बोर्डांर RBI-विकसित पोस्टर्स प्रदर्शित करून जनजागृती करपाच्यो सूचना दिल्यात. उक्तावण समारंभाक नाबार्ड इटानगरचे उपमहाव्यवस्थापक संजय मिश्रा आणि वेगवेगळ्या बँकांचे प्रतिनिधी उपस्थित आशिल्ले

Rashmi 130

कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघरात 14 व्या डी.डी कोसंबी विचार महोत्सवाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. ह्यावेळार कला आनी संस्कृती खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे ,कला आनी संस्कृती खात्याचे सचीव सुनील अंचीपका,संचालक सगुण वेळीप तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. गोंय ही विचारवंताची भुंय, ताका लागुन डी.डी कोसंबे विचार महोत्सव गोयांत जावप महत्वाचे अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.ह्यावेळार मंत्री गोविंद गावडे हांणी हो महोत्सव म्हळ्यार विचारवंताचो ,तशेंच सर्जनशीलतेचे महत्व आशील्लो महोत्सव अशे म्हणला

ताण घेव नाकात,ते तुमका मानसीक त्रास दीता,आयुश्यात येवपी प्रत्येक आव्हानाक सामोरे वचात, तुमचे will power तुमची जीण घडयता,यशाच्या फाटल्यिन धावुंक नाकात,ते कशे मेळटले ताचेखातीर काम करात,तुमची जीण तुमीच घडोंवक शकता ती घडोवपाक दुसऱ्याचेर निंबुन रावुंक नाकात अशे नामनेचे प्रेरक वक्त गौर गोपाल दास हांणी व्यक्त केले. ते नाते आणी जीणेतले नातेसंबंध ह्या विशयाचेर14 व्या डीं डी कोसंबी  महोत्सवात उलयताले

Rajashri 110

वास्कोच्या रवींद्र भवनान कोंकणी चित्रपट महोत्सवा खाला तीन कोंकणी चित्रपटांचें आयोजन केलां. हो महोत्सव 24 ते 26 फेब्रुवारीक जातलो. हो चित्रपट महोत्सव सगळ्यां खातीर फुकट आशिल्ल्याची रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष जयंत जाधव हांणी दिली. ह्या वेळार उपाध्यक्ष डॉ. धर्मेंद्र प्रभुदेसाय, सदस्य शांताराम पराडकार, रवळनाथ पेडणेंकार, अंकुश च्यारी, दामू कोचरेकार, सदानंद घोणसेकार, दिलीप काजळे तशेंच प्रवेश आमोणकार, रवींद्र भवनाचे अधिकारी बरेश नायक हजर आशिल्ले. ह्या महोत्सवाचें उक्तावण मुरगांवचे आमदार संकल्प आमोणकार हांचे हस्तकीं जातलें. 24 फेब्रुवारीक  सांजेवेळार सात वरांचेर दिग्दर्शक निहाल च्यारी हांचो 'आदेस' आनी 'सवंग' हे दोन कोंकणी शॉर्ट फिल्म दाखयतले. ताचे पयलीं 'श्री गजानन गणाराया' आनी 'श्री दामोदर म्हजा देवा' ह्या दोन म्युझीक व्हिडिओचें सादरीकरण जातलें. 25 फेब्रुवारीक सांजेवेळार सात वरांचेर 'काजरो' फिल्म दाखयतले.

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें सांजेच्या ७. २० मिनिटांचेर नमस्कार